०५.०२.२०२६ ७.२५ AM

गणेश ५0

गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6 मार्च ते 27 मार्च 2026 मेरेन जावपाचे आसा. हे विशीची अधिसूचोवणी राज्यपालांनी जारी केल्या. हे अधिवेशनात मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे 2026 - 27 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले. संविधानाच्या कलम १ च्या खंड १७४ खाला राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजूहानी स मार्चक सकाळी ११.३० क विधानसभेच बसका अपोवपाची अधिसुचोवणी जाररी केल्या

रश्मी 60

6 फेब्रुवारीक फोंण्यच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत सरकार तुमच्या दारी कार्यावळ गोंयच्या 12 म्हालांनी सूरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला. ह्या मोहीमेक 80% बरो प्रतिसाद मेळ्ळा.जादर दीसा ह्या कार्यावळीत सुमार 2-2.5 हजार नागरीक वाटो घेतात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोंयकारांनी ह्या उपक्रमाचो लाव घेवन सरकारी येवजण्यो आनी सुविधांचो लाव घेवचो अशे तांणी म्हणला. Bytes

रश्मी 130

गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांची पेन्शन ₹9,000 सावन ₹12,000 मेरेन वाडयल्या, आनी भत्तो 3,000 सा वन 5,000 मेरेन वाडवपाचो निर्णय गोंय सराकरान घेतला. बुधवारा सुटके झुजाऱ्यांच्या एका शिश्टमंडलान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची मंत्रालयात भेट घेवन तांचे वेगेवगळे प्रस्न मुखेलमंत्र्याच्या नदरेक हाडले. हांतुन सुटके झुजाऱ्यांच्य भुरग्यांक शिरवीस दिवप, तशेच हेर बाकी प्रस्नाचो उल्लेक आशिल्लो. हे प्रस्न सुटावे करपाचे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तांका दिला. हे शिवाय मान आनी आदराचे निशाण म्हूण मरण येतकच सुटके झुजाऱ्यांच्या निमाण्या संस्कारांक उपजिल्होधिकारी आनी एक उप -पुलिस अधिक्षक हाजीर रावून सरकारा वतीन आर्गो ओपतले असोय निर्णय सरकारान घेतला. आमच्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांचो स्वाभिमान तिगोवन दवरपा खातीर आनी तांकां तांचे हक्क मेळटले हाची खात्री करपा खातीर संबंदीत खात्यां कडेन लागींच्या समन्वयान सगळ्या खऱ्या हुस्क्याक संवेदनशीलतायेन

आनी प्राधान्यान हाताळटले अशें आश्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांक दिला.

<u>रश्मी 220</u>

डीजीटल युगात लेगीत वाचक आनी लेखकांची गिरेस्तकाय  तिगुन आसा. बरे साहित्यातल्यान एक बरी पीळगी तयार जाता, तशेंच साहित्य नव्य साहित्यिकांची नवी पीळगी जल्माक घालता अशे मत  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. ते नॅशनल बुक ट्रस्टावतीन आयोजित  गोवा पुस्तक  प्रदर्शनाच्या  उक्तावण सुवाळ्यावेळार उलयताले. ह्यावेळार नॅशनल बुक ट्रस्टावतीन अध्यक्ष मिलिंद मराठे, लोकमान्य कल्चरल फाऊंडेशनचे अध्यक्ष किरण ठाकुर, शिक्षण खात्याचे सचिव प्रसाद लोयलेयकार, तशेंच  गोंय  युवा आनी खेळ प्राधिकारणाचे संचालक  अजय गावडे, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. पुस्तकाचे प्रदर्शन हे कायम उगडासान दवरापसारख प्रदर्शन . तशेंच  बरे वाचक  हे लेखकांक उर्बा दिवपी आसता ,ताका लागुन बरे वाचकांची आयच्य काळात गरज आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. ह्या प्रदर्शनात गोंयचे शाळांचें, तशेच  म्हाविद्यालया, आनी हेर शिक्षण घेवपी विदयार्थ वाटो घेतले. वाचन करपी देशाची प्रगती अटळ आसा, आनी अशीच पीळगी विकसित भारत करपाक खर्या अर्थान  तेको दिंवक शकतात अशे ह्यावेळार  मिलिंद मराठे हांणी म्हणला. ह्या प्रदर्शनात  तरणाट्यांक  खंयचे पुस्तवाचप,  पुस्तका कित्याक वाचप,  आनी ती कशा पद्दतीन वाचप हाचे मार्गदर्शन करतले अशी म्हायती  दिल्या.4-8 फेब्रुवारी ह्य काळात  पणजे  कापाल दयानंद बांदोडकार मैदानाचेरं ह्या पदर्शनाचे आयोजन केला. हे शिवाय  साहित्य, नाट्य, अभिनय, पत्रकारीता मळावेल्या नामनेच्या मानेस्ताची चचर्चासत्रा, मुलाखत, तशेंच मार्गदर्शनपार शिबीरांचे ह्या काळात आयोजन केला. गोंयांत  पयलेच फावट केंद्रिय  शिक्षण मंत्रालयाच्या जोडपालवान नॅशनल बुक ट्रस्ट ऑफ इंडीयावतीन हे प्रदर्शन आयोजित केला.ह्या प्रदर्शनता 10 राज्यातल्या 100 प्रकाशकांनी वाटो घेतला. जाल्यार पुस्तकांची 200 दालना ह्या प्रदर्शनात आसात.

६५

सुरक्षा नेमाक पालव दिवपा सयत फायर एनओसी बेगिनात बेगीन दिवपाचे निर्देश उजो पालोपी खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.    cm on fire 60

बेकार आनी अकुशळ तरणाट्यांक खाशेलें कुशळटाय प्रशिक्षण दितले आनी उपरांत प्लेसमेंटूय दितले अशें मुखलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जाहीर केलें. Bytes

खेळ 20

धेंपो स्पोर्ट्स क्लबान एफसी गोंयाक टायब्रेकरांत 5आड 4 अशे हरावोन गोंय पुलीस कप फुटबॉल सर्तीच्या फुडले फेरये खातीर पात्रताय मेळयली.

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 34.5 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.0 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.